प्रादेशिक खबरो ०१०९२०२५ @ ७.२० pm

दहशतवादाबद्दल दुटप्पीपणा अस्वीकार्य आसा अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हानी म्हणला

गोंयकारांक सवाय मोलान नाल्ल उपलब्ध करुन दिवपाच्य हेतान गोंय फलोत्पादन म्हामंडळ काम करतले अशी म्हायती गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेंद्र शेट हांणी दिल्या

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींपेक्षा कोणुच अर्थव्यवस्था बऱ्या तरेन व्यवस्थापित करू शकना हे या तिमाहीत ७.८ टक्के जीडीपी वाढीन हे सिद्ध केला अशे केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी म्हणला

आयज मडगांवां 'आदि कर्मयोगी अभियान' या येवजणेखाला सुरु केल्ल्या चार दिसांच्या कार्यशाळेचे उक्तावण आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी केले

PM TERRRORISM 70

दहशतवादाबद्दल दुटप्पीपणा अस्वीकार्य आसा अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज सांगले तियानजिनात एससीओ शिखर परिषदेत उलयताना मोदींनी सगळ्या प्रकारच्या दहशतवादाचो निषेध करूंक जाय. दहशतवाद हो मानवते खातीर एक व्हड आव्हान आशिल्याचे म्हणले. BYTE TERROR परराष्ट्र सचिव विक्रम मिस्री हाणी म्हणले की, बसकेत मोदींनी द्विपक्षीय संबंधांच्या निरंतर विकासा खातीर सीमावर्ती भागात शांतता राखण्याचे महत्त्व अधोरेखित केले. परराष्ट्र सचिवांनी सांगले की, प्रधान मंत्री मोदींनी सीमापार दहशतवादाच्या आव्हानाचोय उल्लेख केलो आणि त्याच्या आड लढपाक एकमेकांक तेंको दिवपाचे आवाहन केले.BYTE MISRY

RASHMI 65

गोंयात कोळसो हातळपाच्या प्रमाणात वाड जावची ना, परवानगी दिला तितल्याच कोळश्याची येरादारी जातली. ताचे वयर कोळशाची येरादारी जावचे ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. हॉस्पेट ते वास्को मेरेन रेल्वे दोट्टीकरचो केंद्र

सरकारान मान्यताय दिल्या उपरांत  कॉंग्रेस, गोवा फोवर्ड, ,रेव्हुलेशनरी गोवन्स हांणी सरकार गोंयात डबल ट्रेकींग वरवी कोळश्याची येरादारी करपाक  सोदता  असो आरोप केल्लो.  ह्या आरोपांविंशी मुखेलमंत्र्याक  प्रस्न केलो तेंना तानीही जाप दिली  byte

रश्मि 150

सध्या उदकाची ४० टक्के उदकाची गळटी जांवन नाशाडी जाता, बऱ्याचश्या वाठारांनी ४०-४२ वर्सा आदिच्यो उदकाच्यो पायपलायनी आसात. आता त्यो पोरण्यो जाल्यात, कांय कडेन त्यो कळमल्यात, ताका लागुन उदक गळटा हांतुन कांय कडेन उदकाची चोरी जाता. हो प्रस्न सुटावो करपाच्या नदरेतल्यान संबंधित खाते काम करता.उदकाची चोरी करप्यांचेर खर कारवाय जातली अशी शिटकावणीय ह्यावेळार पिवपा उदका खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या.जाल्यार उदकाच्य गळटेक लागुन सरकाराक महसुल गळटी लेगीत जाता असो हुस्को तांणी व्यक्त केला.उदका स्त्रोत खात्याकडल्यान कच्चे उदक घेवंन ताचेर प्रक्रिया करुन गोंयभरात उदका पुरवण जाता. ह्यानफुडे उदका पुरवण वेवस्थित करपाच्या हेतान काम सुरु जाला. पयली भौशिक बांधकाम खात्यानुच उदका उदकाचो विभाग येतालो. मात आता पिवपाच्या  उदकाचे वेगळे खाते केल्यान उदका पुरवणीचो प्रस्न सुटावो करप बेगीन शक्य जातले अशे मंत्री फळदेसाय हांणी म्हळा. पोरण्यो  पायपलीयनी बदलपाकातीर येवपी खर्च, तसेचं  उदका पुरवणीचो प्रस्न जाग्यार घालपाच्य नदरेतल्यान हर साधन सुविधांचे नुतनीकरण हे विंशी अभ्यास करुन गोंयातलो उदका पुरवणीचो प्रस्न सरकार बेगोबेग सुटावो करतले अशी म्हायती  ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या.

प्रसाद 35

ढवळी भौशीक श्री गणेशोत्सव मंडळाक वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार हांनी भेट दिवन सगळ्यांक परबी दीली . तशेंच वीज मंत्र्यान मंडळाच्या वेगवेगळ्या समाजीक उपेगी वावराची तोखणाय केली. मंडळाचे अध्यक्ष मोनाल मणेरीकार हाणी  तांका फुलांचो गुच्छ दिवन येवकार दिलो

गणेश 40

प्लास्टर ऑफ पॅरीस गणेश मुर्तींचेर बंदी जरी आसली तरी लोकांक फटोवन विक्री जावपाचें प्रमाण वाडतूच आसा. शाडुचे मातयेची मुर्ती म्हूण सांगून प्लास्टर ऑफ पॅरीसची मुर्ती विकतात. कायद्यान बंदी आसली तरी प्लास्टर ऑफ पॅरीस मुर्ती बंद जावपा खातीर लोकां मदीं जागृताय जावपाची गरज आसा, अशें आमदार प्रेमेंद शेट हांणी म्हणलां.

डेस्क 80

मजगती पाच दिसांच्या गणपतीचें काल विसर्जन जाले. गोंयभर गणपती विसर्जनाच्यो सुवातो निवळ करून विसर्जनाची सुविधा उभारल्या. चडश्या वाठारांनी तळयो , तळीं वा न्हयांनी गणपती विसर्जीत करतात. विसर्जन थळांचेर वाजत- गाजत मूर्ती हाडप थंय आरती करप आनी उपरांत ... गणपती बाप्पा मोरया पुढच्या वर्षी लवकर या अशें म्हणत मातयेची मूर्त उदकांत विसर्जीत करप अशी परंपरा आसा. सार्वजनिक गणेश उत्सवाक लेगीत नेट आयला.  माटवां माटवांनी मन रिजवणेच्यो सांस्कृतिक कार्यावळी सुरु आसात. आता राज्यात ७,९, 11  आणि 21 दिसांचे गणपती उरल्यात

डेस्क 130

अपूर्व प्रकाशन वतीन सर्गस्त संजीव वेरेंकार यादस्तीक तिसरी अखील भारतीय कोंकणी कविता लेखन सर्त आयोजीत केल्या सर्ती खातीर नेमावळ अशी आसा. 1. साहित्य अकादेमी नवी दिल्लीचो पुरस्कार फाव जाल्लो तशेंच मंगळुरचो विश्व कोंकणी केंद्राचो विमला पै साहित्य पुरस्कार मेळिल्लो साहित्यीक हे सर्तींत वांटों घेवंक शकना. 2. सर्ती खातीर कविता देवनागरी लिपयेंतलीच स्विकारतले. 3. कविता नवी, मौलीक, स्वतंत्र आसची. पयलीं खंयच वाचिल्ली वा छापील वा इलेक्ट्रॉनीक वा सोशल माध्यमांचेर प्रकाशीत जाल्ली आसूंक फावना.

4. एका कवीक सर्ती खातीर एकूच कविता धाडूंक मेळटली. 5. कविता स्वता रचिल्ली आसची, अणकारीत वा रूपांतरीत उपकारचिना. 6. कविते खातीर विशयाचें बंधन ना, 7. सर्ती खातीर कविता धाडपाची निमाणी तारीख 31 ऑक्टोबर आसा

रश्मी 150

चवथीच्या काळात गोंयकारांक नाल्लाचो उणाव जावचो न्ही म्हण गोंय फलोत्पादन म्हामंडळान सवाय मोलान नाल्ल म्हामंडळाच्य गाड्याचेंर गोंयभर उपलब्ध करुन दिल्लो. ह्या नाल्लाचो खप बरो आसा, तशेचं गंयात नाल्लाखातीर मागणीय चड आसा. हे फांटभुर्येर फुडारात लेगीत असा पद्दतीन सवाय मोलान नाल्ल उपलब्ध करुन दिवच्या हेतान सरकारान विचार सुरु आसा अशी म्हायती गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेंद्र शेट हांणी दिल्या. सध्या गोंयांत नाल्लाचे उत्पादन उणे आशिल्ले. हेर राज्यातल्यान नाल्ल गोंयात आयात करचो पडटा ही स्ध्य स्थिती आसा अशे ह्यावेळार प्रेमेंद्र शेट हांणी म्हणला.

चवथीच्या काळात म्हण्यल्यारुच 12- 13 दिसांनी , 75 हजार नाल्ल खपल्यात. 25 हजार प्रत्येकी अशे तीन खेपे हे नाल कर्नाटकातल्यान आयात केल्ले. आमदाराकडल्यान, तशेंच गोंयकारांकडल्यान हे नाल्ल उपलब्ध केल्या खातीर बरो प्रतिसाद मेळ्ळा. फुडारात मागणे प्रमाण कितल्या प्रमाणात नाल्ल आयात करचे पडटले, ते खंयच्यान हाडचे आनी वेवसायिक नदरेतल्यान तांचे मोल ह्या सगळ्याचेंर अभ्यास करुन गोंयकारांक सवाय मोलान नाल्ल उपलब्ध करुन दिवपाच्य हेतान गोंय फलोत्पादन म्हामंडळ काम करतले अशी म्हायती ह्यावेळार प्रेमेंद्र शेट हांणी दिल्या.

RIJIJU 40

केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी म्हणला की या तिमाहीत ७.८ टक्के जीडीपी वाढीन हे सिद्ध केले की प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींपेक्षा कोणुच अर्थव्यवस्था बऱ्या तरेन व्यवस्थापित करू शकना. रिजिऊ हाणी म्हणले की, प्रधान मंत्री मोदी भारताक स्वावलंबी करपाक मेक इन इंडियाक प्रोत्साहन दिवप आणि स्वदेशीचो अवलंब करपाक सांगत आसता byte

सुशांत 190

गोंयांत आदिवासीची सुमार १ लाख ६० हजार लोकसंख्या आसा तांतलो ५० टक्के समाज स्वत:च्या पायाचेर उबो असा. आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज

मडगांवां ‘आदि कर्मयोगी अभियान’ या येवजणेखाला सुरु केल्ल्या चार दिसांच्या कार्यशाळेचे उक्तावण करताना ही प्रतिक्रिया उक्तायली. गोंयांत अजूनय ५ ते ६ हजार आदिवासी कुटुंबांचो राबित्याचो दर्जो वाडोवपाक जाय. त्याखातीर ह्या कुटुंबामेरेन पावून तांकांय उदरगतीच्या मुखेल धारेत हाडपाखातीर प्रयत्न जावपाक जाय अशें मत तांणी उक्तायलें.

ही कार्यशाळा केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयाच्या जोड पालवान गोंयच्या आदिवासी कल्याण खात्यान घडोवन हाडल्या. सध्या चालू आशिल्ल्या जनजाती गौरव वर्सानिमतान ही कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ह्या येवजणेखाला २० लाख आदिवासी युवकांक मुखार हाडपाचे लक्ष केंद्र सरकारान दवरला . आदिवासी कल्याण खात्याची सचिव चेष्टा यादव, दक्षिण गोंयची जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस तसेच आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक दीपक देसाय हे वेलार हाजीर आशिल्ले.

गोंयांत बेरोजगारी हो चिंता करपासारके विशय न्हय. युवकांनी शेती उत्पादनाखातीर फुडाकार घेतल्यार बेरोजगारीचे प्रस्न निश्चितच सुटू येता. आदिवासी समाज सक्षम जावचो ह्याखातीर खासा राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे ह्या येवजणेच्या चलणुकेचेर लक्ष दवरुन आसात अशें तांणी सांगलें. ह्या चार दिसांच्या कार्यशाळेत भारत ग्रामीण उपजिविका फावंडेशनची प्रतिनिधी जानकी, मुकेश, रामप्रकाश तसेच पुण्यात जाल्ले सात दिसांचे कार्यशाळेत प्रशिक्षण घेवन आयिल्ले गोंयांतले अधिकारी मार्गदर्शन करतलें.

स्पोर्ट्स 50

चांदर सी मेन चषक आंतर ग्राम फुटबॉल सरतीत स्पोर्टिंग क्लब दवर्ली पगडाक 5-4 गोल फरकान पराभव करून युनायटेड स्पोर्ट्स क्लब सुरावलीन उपांत्य फेरयेत प्रवेश मेळयलो

फातोरडेच्या डॉन बोसको ऑरेटरी पगडाचो 3-3 अशा फरकान पराभव करून युनियन ऑफ चिचोणे विलेजर्सन फादर ब्रूनो लयताव यादस्तिक आंतर ग्राम फुटबॉल सरतीत निमणे फेरयेत प्रवेश मेळयलो

IMD 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. हवेतली आर्द्रता ९७ टक्के आसा. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला